# आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या
## प्रादेशिक खबरा

**26 April 2025** **सकाळी -7.25**

**CM Pakistan -**

गोंयात सध्या 3 पाकिस्तानी नागरिक, अल्प काळाच्या व्हिसाचेर आसात जाल्यार, 17 पाकिस्तानी नागरिक दीर्घकालीन व्हीसाचेर आसा. 3 पाकिस्तानी नागरिकांक 27 एप्रिलमेरेन देश सोडचो पडटलो, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले. केंद्रीय गृह मंत्रालयाच्या आदेशा उपरांत, मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी काल मंत्रालयात, उचेल्या पावंड्याचेर सुरक्षेविशी बसका घेतली. पहलगाम हल्ल्याच्या फाटभूयेर, राज्यात खर सुरक्षा उपायांची कार्यवाय जातली, अशे मुखेलमंत्र्यांनी स्पष्ट केले.

**Margao Protest -**

पहलगामच्या आतंकवादी हल्ल्याचो मडगांवां, गोवा मुस्लीम फोरम या संघटनेन निशेद केलो. आतंकवाद्यांक कसलोच धर्म लागना. खर बंदोबस्त आसतना हो हल्लो कसो जालो, हाची चवकशी जावपाची गरज आसा. इस्लाम धर्म कोणाचोच जीव घेवपाक शिकयना. जीव वाटावपाक शिकयता. काश्मिरी मुस्लिमांनी पर्यटकांक मजत करीत तें दाखोवन दिलें, अशें समाजीक कार्यकर्ते अझीम शेख हांणी ह्यावेळार उलयताना सांगलें. दक्षीण गोंय जिल्लोधिकारी कार्यालया लागसार, गोवा मुस्लीम फोरम हे संघटणे वतीन, पहलगामच्या दहशतवादी हल्ल्याचो निशेद केलो. ह्या वेळार अझीम शेख हांणी सांगलें, पहलगाम पर्यटना खातीर गेल्ल्या पर्यटकांचेर दहशतवादी हल्लो केलो. थंय मरण आयिल्ल्यांक आर्गां ओंपून ह्या हल्ल्याचो आमी निशेध करतात. आतंकाक धर्म नासता. खरो मुसलमान केन्नाच आतंकवादी जावपाक शकना. मुसलमान सगल्यांक वांगडा घेवन मुखार सरता. जांणी हल्लो केलो ते फकत नांवाचे मुसलमान आशिल्ले. इस्लाम कोणाकूच मारपाक शिकयना. भारताची एकता आनी अखंडता कायम उरचे खातीर सगल्यांनी एकवटीत प्रयत्न करपाचो उलो तांणी मारलो. इतले मजगती काल सांजे, अभाविप आनी भाजयुमो ह्या संघटनांनी, मडगावच्या पालिकेमुखार उबे रावन ह्या हल्ल्याचो निशेद केलो. मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी ह्या मिरवणुकेत वांटो घेतलो.

उच्च शिक्षण प्रवेश -

उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या खाला येवपी, शासकीय आनी अनुदानीत महाविद्यालयांची, पयलें वर्स ऑनलायन प्रवेश प्रक्रिया, ११ एप्रील सावन सुरू जाल्या. अर्ज करपाची निमाणी तारीख ३० एप्रिलाक आसा. आतां मेरेन समर्थ पोर्टलार, णव हजार अर्ज मेळ्ळ्यात, अशी म्हायती उच्च शिक्षण संचालनालयाचे नोडल अधिकारी डॉ. महादेव गांवस हांणी दिली. ३० परस चड पद्वीपूर्व कार्यावळींचो आसपाव आशिल्ले हे प्रवेश प्रक्रियेंत, राज्यांतल्या सुमार ४० महाविद्यालयांनी वांटो घेतला, अशी म्हायती डॉ. गांवस हांणी दिली.

**Agriculture -**

गोंयच्या शेतकी खात्यान 2024-25 ह्या वर्सा दक्षिण गोंयांतल्या 37 हजार 685 शेतकारांक 24 कोटी २६ लाख रुपयांचे अनुदान वांटला अशी म्हायती शेतकी खात्यान दिल्या. वेगवेगळ्या येवजणांखाला हें अनुदान दिला, अशी म्हायती सुत्रांनी दिली. फाटल्या वर्सा 663 शेतकारांक यंत्रां खरेदी करपाक, 93 लाख ५१ हजार रुपया, शिंपणावळ आनी बागायती खातीर 1 हजार 92 शेतकारांक 2 कोेटी 02 लाख रुपया, शेतकारांक मुळावी मजत म्हूण 1 कोटी 87 लाख रुपया, बियाणे खरेदी करपाक 5 हजार 629 शेतकारांक 51 लाख 47 हजार रुपया मजत दिल्या.

पीएम मन की बात -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीर जावपी 'मन की बात' कार्यावळींत, देश विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो, हो 121वो भाग आसतलो. ही कार्यवळ पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, AIR न्यूज संकेतथळ, News on air मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातली. तशेंच AIR न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर हाचो थेट प्रसारण जातली. आकाशवाणी, हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच, प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतले.

शारदा ग्रंथ प्रसारक -

फोंडेच्या शारदा ग्रंथ प्रसारक संस्थेचो ओंदूचो साहित्य पुरस्कार प्रदान सुवाळो आयतारा, २७ एप्रिलाक जातलो. थ्रिफ्ट सोसायटी सभाघर, फोंडा हांगा सकाळी साडेणवांक सुरू जावपी ह्या सुवाळ्याक, ज्येष्ठ गोमंतकीय साहित्यिक डॉ. अरूण हेबळेकर मुखेल सोयरे म्हूण हाजिर रावतले.

आयपीएल टी20 **- 40**

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत, काल रातीं एमए चिदंबरम स्टेडियमार सनरायझर्स हैदराबादान, यजमान चेन्नई सुपर किंग्साक, पांच विकेटींनी हारयलो. मजगती, आयज सांजे ईडन गार्डन्सांत सांजे 7.30 वरांचेर, यजमान कोलकाता नाइट रायडर्स आनी पंजाब किंग्स हांचे मदीं खेळ जातलो.

तापमान - 80 पळोवया आयचे तापमान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, पणजेत चडात चड 35 अंश सेल्सियस जाल्यार, कमीत कमी 27.3 अंश सेल्सियस इतले तापमान नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस तापमान, 27 ते 35 अंश सेल्सियस मेरेन आसतले. काय वाठरांनी दमट, उष्ण वातावरण आसू येता.